**कला आनी संस्कृती संचालनालय आयोजीत राज्य पावंड्यावयल्या नौकाविहार सर्त आनी गोठो सजावट सर्तींच्या जैतिवंतांक इनामां भेटयली**

ता. 21 जानेवारी 2025

कला आनी संस्कृती संचालनालयान विठ्ठलापूर साखळी हांगा 15 नोव्हेंबर 2024 दिसा त्रिपुरारी पुनवेच्या उत्सवा वेळार राज्य पावंड्याचेर नौकाविहार सर्त आनी 26 ते 31 डिसेंबर 2024 मेरेन नाताला निमतान राज्य पावंड्याचेर गोठो सजावट सर्तीचे आयोजन केल्ले. फाटल्या शेनवारा दर्या संगम, कला अकादमी, कांपाल हांगा लोकोत्सवाच्या माचयेर आयोजीत कार्यक्रमात दोनीय सर्तींच्या जैतिवंतांक इनामां भेटयली.

नौकाविहार सर्तीत 24 सर्तकांनी आनी गोठो सजावट सर्तीत संस्थां/पंगड गटात 28 आनी वैयक्तीक/घरगुती गटात 43 मेळून 71 सर्तकांनी जाणांनी वाटो घेतिल्लो. मानेस्तांच्या हस्तुकीं सर्तींच्या जैतिवंतांक रोख इनाम, ट्रॉफी आनी प्रशस्तीपत्र भेटयले.

इनामां वाटप सुवाळ्याक कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे संचालक श्री. सगुण वेळीप, उपसंचालक मिलींद माटे, दिनेश पवार तशेंच कारापूर सर्वण पंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती तन्वी सावंत, उपसरपंच दिव्या नाईक, दीपावली उत्सव समिती, साखळीचे अध्यक्ष दिनेश उसपकर आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/74

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.